**<u>जनावरां पोसपी आनी नुस्त्यां उत्पादन घेवपी शेतकारांक किसान क्रेडिट कार्ड येवजणेचो लाव</u>**

ता. 13 फेब्रुवारी 2020

शेतकारांखातीर लागू आशिल्ल्या किसान क्रेडिट कार्ड येवजणेखाला आता जनावरां आनी नुस्तें पोसपी शेतकारांचोय आसपाव केला. गोंयातल्या जनावरां पोसपी आनी नुस्त्यां उत्पादन घेवपी शेतकारांक ह्या येवजणेचो फायदो जातलो. प्रधानमंत्री किसान येवजणेचो पयलो वर्सुकीं दीस म्हळ्यार 24 फेब्रुवारी मेरेन एक कोटी किसान क्रेडिट कार्डा दिवपाचे उद्दीश्ट बँकांनी दवरला. जिल्हा प्रशासन, नाबार्ड, बँको आनी राज्य सरकाराच्या संबंदीत खात्यांच्या सहकार्यान ही मोहिम राबोवपात येता.

सगळ्यां पात्र प्रधानमंत्री किसान लाबधारकांचो आसपाव किसान क्रेडिट कार्ड येवजणेखाला करपाचो सल्लो बँकांक दिल्लो आसा. ह्या येवजणेच्या जागृती खातीर सरकारी यंत्रणांच्या सहकार्यान बँकांमार्फत जागृती शिबीरां आयोजीत करपात येता. किसान क्रेडिट कार्ड येवजणेचो फायदो घेवपाक इत्सुक आशिल्ल्या शेतकारांनी आपल्या संबंदीत बँकेच्या शाखेकडेन संपर्क करून अर्ज करचो.

अर्ज सुपुर्द केले उपरांत दोन सप्तकाभितर पात्र शेतकाराक संबंदीत बँकेकडल्यान किसान कार्ड जारी करतले. तशेंच किसान क्रेडिट कार्ड येवजणेखाला 3 लाखां मेरेन रीण घेतिल्ले शेतकार आरबीआय आनी नाबार्ड मार्फत चालीक लावपात येवपी भारत सरकाराच्या इंटरेस्ट सबव्हेंशन येवजणेकय पात्र आसात. तशेंच किसान क्रेडिट कार्ड येवजणेच्या 3 लाखामेरेनच्या रिणाखातीर सगले तरेचे प्रक्रिया शुल्क माफ आसतले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/136

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA